प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लींत न्यूझीलंडाचे समकक्ष क्रिस्टोफर लक्सन हांचे वांगडा रायसीना संवाद 2025 चें उक्तावण करतले. फाल्यां सावन 19 मार्च मेरेन रायसीना संवादाची धावी आवृत्ती चलतली.

रायसीना संवाद ही जागतीक समाजा मुखार आशिल्ल्या प्रस्नांचेर उपाय काडपी भारताची भू-राजनीती आनी भू-अर्थशास्त्रा विशींची ही मुखेल परिशद. दर वर्सा राजकारण, वेवसाय, माध्यमां आनी नागरी समाजांतले फुडारी नवी दिल्लींत एकठांय येवन जगाचे स्थितीविशीं भासाभास करतात आनी समकालीन विशयांतल्या विस्तृत गजालींचेर सहकार्याच्यो संदी सोदून काडटात. परराश्ट्र मंत्रालयाच्या भागीदारींत ऑब्जर्व्हर रिसर्च फावंडेशन हे परिशदेची येजमानकी करतले.

लंडन, यूकेच्या सेंट्रल बँकिंगेकडल्यान डिजिटल ट्रान्सफॉर्मेशन अवॉर्ड 2025'साखातीर वेंचून आयिल्लेबद्दल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीय रिझर्व्ह बँकेची तोखणाय केल्या. हें शासन नवनिर्माण आनी कार्यक्षमतायेचेर भर दिता म्हणपाचें ही कामगिरी दाखोवन दिता. डिजिटल इनोव्हेशन भारताची अर्थीक प्रणाली घटमूट करता अशें श्री मोदी हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या एका पोस्टांत म्हळां.

केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी तमिळनाडूंत दोन मुखेल इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन क्लस्टर तयार करपाची घोशणा केल्या. 1,112 कोटी रुपयांची गुंतवणूक आशिल्ले हे क्लस्टर पिल्लई पक्कम आनी मनाल्लूर हांगा स्थापन करतले. जागतीक इलॅक्ट्रॉनिक्स प्रणाली डिझायन आनी उत्पादन क्षेत्रांत भारताची सुवात घटमूट करपाखातीर हे उपक्रम म्हत्वाचे थारतले अशें केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी म्हळां. काल चेन्नयत झेटवर्क इलॅक्ट्रॉनिक्साच्या नव्या उत्पादन सुविधेच्या उक्तावण सुवाळ्यावेळार तांणी ही घोशणा केली. 15 एकराचेर पातळिल्ली ही सुविधा तमिळनाडूच्या इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन उद्देगाक चालना दिवपाक आनी 500

अब्ज ईएसडीएम (ESDM) बाजारपेठ मेळोवपाच्या भारताच्या महत्वाकांक्षेक आदार दितली अशें वैष्णव हांणी म्हळां.

इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादनाचें मुखेल केंद्र म्हूण तमिळनाडू कशेतरेन उदयाक आयलां, वाडिल्ल्या सरकारी आदाराक लागून आनी सरकारान रेल्वे अर्थसंकल्पात 6 हजार कोटी रुपयां परस चड वाटो दवरील्ल्या कारणान कशेतरेन फायदो जाला हाचेरय केंद्रीय मंत्र्यानी भर दिलो. भारतांतलें इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन क्षेत्र नेटान वाडत आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दिश्टीकोनाक लागून आमी भारताक जागतीक उत्पादन केंद्र म्हूण स्थापन करपाक शकले अशें श्री वैष्णव हांणी म्हळां.

2028 मेरेन जर्मनीक फाटीं उडोवन भारत संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था थारतली अशें संवसारीक अर्थीक सेवा कंपनी मॉर्गन स्टॅनलीच्या अहवालांत म्हळां. वर्स 2023'त 3.5 ट्रिलियन डॉलर मोलाची भारतीय अर्थवेवस्था 2026 मेरेन 4.7 ट्रिलियन डॉलर मेरेन वाडटली असो अदमास ह्या अहवालांत उक्तायला. वर्स 2028 मेरेन भारत जर्मनीक फाटीं उडयतलो आनी भारताची अर्थवेवस्था 5.7 ट्रिलियन डॉलर मेरेन वाडटली. भारत संवसारांतलो सगळ्यांत चड मागणी आशिल्ली बाजारपेठ म्हणून उदयाक आयला. स्थिर अर्थीक धोरण आनी सुदारीत मुळाव्या साधनसुविधांक लागून भारताक ही सुलभताय मेळ्ळ्या अशें मॉर्गन स्टॅनली अहवालांत म्हळां. मॉर्गन स्टॅनलीच्या अहवाला प्रमाण भारताची संवसारीक अर्थीक क्रमवारी खूब सुदारल्या, १९९० वर्सा बाराव्या व्हड अर्थवेवस्थेंतल्यान २००० वर्सा तेराव्या क्रमांकाचेर पावल्या, आनी उपरांत २०२० वर्सा ९ व्या क्रमांकाचेर आनी २०२३ वर्सा ५ व्या क्रमांकाचेर पावल्या.

संवसारीक जीडीपींत भारताचें योगदान 2029 मेरेन 3.5 टक्क्यां वयल्यान 4.5 टक्क्यां मेरेन वाडपाची अपेक्षा आसा. फुडल्या दशकांत भारताक संवसारीक उत्पादनांत वांटो मेळपाची शक्यताय आसा. एक कार्यक्षम लोकशाय, स्थिरताय प्रभावीत धोरण, बरी मुळावी बांदावळ, वाडटो उद्देजक वर्ग अशा घटमूट मुळाव्या घटकांक लागून हें शक्य जालां अशें संवसारीक अर्थीक सेवा कंपनी मॉर्गन स्टॅनलीच्या अहवालांत म्हळां .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ताबो घेवन 'मेक इन इंडिया' आनी 'डिजिटल इंडिया' ह्या उपक्रम सुरू केल्ल्या कारणान उद्देगीक नवनिर्माणाच ल्हार फाकलें, गांवांत उत्पादन केंद्रां आनी शारांत अर्थीक केंद्रां सुरू जालीं म्हूण हें शक्य जालें अशें भाजपान एका सोशल मिडिया पोस्टांत म्हळा

देशभरांत आयज राष्ट्रीय लसीकरण दीस मनयतात. इम्युनायझेशनाची जाणीव करून दिवपाखातीर दर वर्सा 16 मार्चाक हो दीस मनयतात. दरेका भुरग्याची जतनाय घेवपाची मोख गाठपाखातीर लसीकरण म्हत्वाचें आसा अशें भलायकी मंत्रालयान सोशल मिडियाचेर केल्ल्या एका पोस्टांत म्हळां. मंत्रालय, राज्य सरकार आनी फ्रंटलायन भलायकी कर्मचाऱ्यां वांगडा भुरग्यांची रोगप्रतिकार शक्त वाडोवपाक कटिबद्ध आसा अशें तातूंत म्हळां.

वर्स 2014 त लसीकरण वाडोवपा खातीर मिशन इंद्रधनुष सुरू केल्लें. भुरग्यांच्या मरणाचो आंकडो उणो करपाखातीर आनी लसीकरणाची प्रक्रिया नेटान चालीक लावपाखातीर हो उपक्रम सुरू केल्लो. 2 वर्सां सकयल्या भुरग्यांक आनी गुरवार बायलांक उपलब्ध आशिल्ल्यो सगळ्यो लसी दिवन तांची रोगप्रतिकारशक्ती वाडोवप हो मिशन इंद्रधनुषाचो हेत आसा अशें भलायकी मंत्रालयान म्हळां